# क्रांती दीस हो  शोर्य आनी  त्यागाचे प्रतीक आसा: फळदेसाय

ता. 18 जून 2025

गोंय क्रांती दीस हो  शोर्य आनी  त्यागाचे प्रतीक जावन आसा. गोंय मुक्ती चळवळीत स्वातंत्र्य सैनिकांनी पोर्तुगीज सत्तेआड धाडस आनी त्यागाच्या भावनेन लढो दिलो आनी तांणी केल्ले धाडस आनी त्यागाक लागून  19 डिसेंबर 1961 दिसा गोंय पोर्तुगीज राजवटीतल्यान मुक्त जालें,  अशें .समाज कल्याण मंत्री श्री. सुभाष फळदेसाय हांणी आयज मडगांवच्या लोहिया मैदानाचेर आयोजीत गोंय क्रांती दीस कार्यक्रमात उलयतना सांगलें.

फळदेसाय हांणी पोर्तुगीज सत्तेआड आवाज करून गोंयच्या लोकांमदी मुक्ती चळवळीची किट पेटोवपी  राष्ट्रवादी फुडारी आनी  स्वातंत्र्य सैनिक डॉ. राम मनोहर लोहिया आनी गोंयच्या सुटके झुजाऱ्यांच्या उगडासाक  नमन करून आयच्या तरणाट्या पिळगेन स्वातंत्र्याचो आनंद घेता आसतनाच समाजप्रती आपले कर्तव्य लक्षात घेवन काम करपाचो उलो मारलो.

गोंय मुक्ती चळवळीचो इतिहास नवीन पिळगेक कळचो म्हूण सरकार गोंय मुक्ती चळवळीचेर  22 भागांची ॲनिमेशन वेब सिरीज तयार करतले,  अशेंय तांणी सांगलें.

18 जून क्रांती समितीचे अध्यक्ष श्री. अविनाश शिरोडकर हांणी गोंय मुक्ती चळवळीत स्वातंत्र्य सैनिकांनी दाखयिल्ले धाडस आनी  त्यागाचे स्मरण करून स्वातंत्र्य चळवळीच्या इतिहासीक स्मारकांचे जतन करपाची गरज व्यक्त केली.

स्वातंत्र्य सैनिकांच्या भुरग्यांक  सरकारी सेवेत आस्पावन घेतिल्ले खातीर शिरोडकर हांणी सरकारचे उपकार मानून उरिल्ल्या  35  जाणांक जाता तितले बेगीन नोकरेत आस्पावन घेवपाची मागणी केली.

सुरवातीक मानेस्तांनी  डॉ. राम मनोहर लोहियाच्या स्मारकाचेर पुष्पचक्र अर्पण करून आदरांजली ओपली.

आमदार श्री. दिगंबर कामत, श्री. उल्हास तुयेंकर, विरोधी पक्षफुडारी युरी आलेमांव,  नगराध्यक्ष श्री. दामोदर शिरोडकर, दक्षीण गोंय जिल्हाधिकारी श्रीमती एग्ना क्लीटस आयएएस, पुलीस अधीक्षक श्री. टिकम सिंग वर्मा आयपीएस, संशोधक श्री. अभिषेक रंजन सिंग, स्वातंत्र्य सैनिक श्री. वसंत नाईक, विद्यार्थी आनी नागरिक कार्यक्रमाक उपस्थित आशिल्लें.

श्री. अनिल पै हांणी कार्यक्रमाचे सूत्रसंचालन केले.

म्हा /सप/    / विगां/ 2025/554

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.